।। विद्या सर्वस्य भूषणम ।।

**PRABODHAN EDUCATION SOCIETY'S**
**Vidya Prabodhini College of Commerce, Education, Computer & Management**
**Vidyanagar, Alto-Parvari, Goa**
**SEMESTER END EXAMINATION – OCTOBER 2017(Regular/Repeat)**

Sub: **Konkani** Paper: **Elective** Semester: **III S.Y.B.A.B.Ed.**
M. Marks: **70 marks** M. Time: **2 hours**

*****************************************************************************

सुचोवण्यो: 1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.
3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

**प्र 1.** सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(12)**

1. कवितेचे अंलकार नमूद करुन खंयचेय दोन देखी सयत स्पश्ट करात.
2. कोंकणी कवितेच्या खंयच्याय दोन प्रवाहांचेर उजवाड घालात.
3. कवितेचे बालगितां आनी बायलांची गितां ह्या प्रकारांचेर भासाभास करात.

**प्र.2.**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(12)**

1. 'कावळ्याचो मरणा-सुवाळो' हया कवितेंत कवी कसलो संदेश दिता? तुमच्या उतरांनी बरयात.
2. 'कशें तुका रे मेळचें' हे कवितेंत मांडिल्लो विरह तुमच्या उतरांनी मांडात.
3. 'कम्प्युटरा एक उपकार कर' हे कवितेंतल्यान कवी खंयच्या सामाजीक प्रस्नाचेर उजवाड घालता?
4. 'नातलां तुज्या काळजांत' हे कवितेंत कवी आमी नातलां मनोवपाक कितें करूंक जाय अशें म्हण्टा?

**प्र 3.** सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन वळींचें** संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. **(12)**

1."देखून आमचीं कावळ्याचीं कात आनी जात आसता एकाच रंगाची"

2."केन्नाय मार बऱ्याक पडटा
दुसऱ्याच्या दुखाचो
थाव घेवूंक."

3. ताबंड्या मातीची ओड अनावर
पायांक घालता घट्ट मिठी
भूतकाळाचें नाजूक नातें
सोडना जिवाक उटाउटी."

4.पंचवीस तारखेक तिसऱ्यो कुल्ल्यो
तीस तारखेक सुकीं सुंगटां."

**प्र.4.**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(12)**

1. 'काव्यफुलां' ह्या कविता झेल्यांतल्या सकारात्मक विचार केळोवपी कवितांचेर भासाभास करात.
2. 'काव्यफुलां' ह्या कविता झेल्यांत सामाजीक प्रस्नांचेर कविता मांडल्यात. चर्चा करात.
3. आमच्या जिवितांतलें गांवाचें म्हत्व पटोवन दिवपी कवितांचेर उजवाड घालात.
4. 'वादळमोडां' ही कविता खंयच्या गजाली बद्दल निराशा परगटायता?

**प्र.5. अ)** सकयल दिल्ल्या कोंकणी उताऱ्याचो **इंग्लिशींत** अणकार करात. **(06)**

आपणालीं कोंकणी पुस्तकां आनी मराठींतलें ख्रिस्तपुराण नागरींत छापचीं अशीं फा.स्टीवन्स हांची इत्सा आसली.हाची गवाय ह्या पत्रांत आसा.पूण तांची इत्सा फळाक आयली ना. कांय वर्सा तांणी वाट पळयली; पूण अखेरेक तीं पुस्तकां रोमी लिपींत उजवाडाक आयलीं. ते 'थळावी भास आनी लिपी' असो उल्लेख करतात तेन्ना कोंकणी भास आनी नागरी लिपी हेंच सांगतात हें वेगळें सांगपाची गरज ना.

**ब)** सकयल दिल्ल्या इंग्लिश उताऱ्याचो **कोंकणीत** अणकार करात. **(06)**

The misery that we suffer comes from ignorance, from non-discrimination between the real and the unreal. We all take the bad for the good, the drama for the reality. Soul is the only reality, and we have forgotten it. Body is an unreal dream; we think we are all bodies. This non-discrimination is the cause of misery. It is caused by ignorance.

**प्र 6. अ)** शुध्दलेखनाचे नेमाप्रमाण **उतारो शुध्द करून बरयात.** **(05)**

शीक्षणाचे एक शास्त्र आसा. बालमानसशास्त्र हया शास्त्राची थंय संबद आसा. देखुन मूळाव्या शाळातले माध्यम हो वीशय त्या शास्त्रांतल्या तज्ञांनि सांगला ते प्रमाण थारावपाचो.

**ब)** सकयल दिल्लीं उतरां **शुध्दलेखनाचे नेमा प्रमाण शुध्द** करून बरयात. **(05)**

1. आर्सिवाद 2.धर्मयूधात 3.विरबद्र 4. धमर्कोल्लि 5. आंमत्रंण

*******************************************************************************